Panaji Regional 11th July 2025 7.25am

Tourism – 220

गोंय पर्यटनाक आनीक  बऱ्या पांवड्याचेर वरपाक काल  मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांच्या अध्यक्षातायेखाला पर्वरे मंत्रालयात पर्यटन मळावेल्या जाळवणदारा बरोबर बसका जाली. ह्यावेळार पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे, तशेंच राज्याचे मुख्य सचिव वी. कान्दावेलु, गोंय पर्यटन उदरगत  म्हामंडळाचे अध्यक्ष गणेश गांवकार, तशेंच वेगवेगळ्या खात्याचे प्रमुख हाजीर आशिल्ले.

गोंयांक सैमिक  सोबितकाये सयत आता धर्मिक पर्यटन, वेलनेस टुरीझम, तशेंच खेळा -मळाचे केंद्र करपाची मोख राज्य सरकारान दवरल्या आनी ते दिखेन काम सुरु आसा अशी म्हायती ह्यावेळार  सावत हांणी दिली. गोंयातले पर्यटन आता हंगामी पर्यटन उरुंक ना जाल्यार  365 दिस पर्यटन थंळ जाला. हे खातीर  नितळ, पाचवेचार शाश्वत गोंय पर्यटनाची उदरगत  करपाक गोंय सरकार प्राधान्य दिता अशें  तांणी म्हळा.

गोंय हे आंतरराश्ट्रीय पर्यटन थंळ आशिल्लयान जागतिक  पांवड्याचेर  गोंयच्या पर्यटनाक जोडपार व्हीसा ऑन अरायव्हल  संकल्पना मतीत दवरुन हवाई कनेक्टीव्हीटी घटमुट करपाच्य नदरेतल्यान सरकार  विशेश महत्व दिता. हे शिवाय गोंयच्या तरणाट्यांक  पर्यटन मळार आशिल्ली रोजगाराची संद मेळची म्हण तांका मनीसबळ कुशळटाय विभागावरवी प्रशिक्षण सरकार दितले  अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यानि  दिल्या.

वाय फाय  कनेक्टीव्हीटी, बरे रस्ते, अबकारी दाखले बेगोबेग दिवप, वेगवेगळे वेवसायिक परवाने दिवपाची प्रक्रिया  जलद करपाविंशी ह्यावेळार चर्चा जाल्याची म्हायती मुखेलमंत्र्यान दिल्या.

ह्या बसकेक  पर्यटन खाते, SHACK, TTAG संघटनेचे वांगडी, पंच तारांकित हॉटेलांचे प्रतिनिधी, तशेंच पर्यटन मळावेले हेर जाळवणदार हाजीर आशिल्ले, तांणी लेखी सुचोवण्यो दिल्यात. पर्यटन मळावेल्या स्पर्धात्मक जगात गोंय पर्यटन फाटी उरचे

न्ही म्हण सरकार वेगवेगळी पावला मारीत आसा अशें  पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे हांणी हयावेळार म्हणला.

Fisheries – 70

कुडतरी पंचायत सभाघरात काल राष्ट्रीय मत्स्यपालन दिस मनयलो. नुस्तेमारी खात्याचे मंत्री नीलकंठ हळर्णकर मुखेल सोयरे आशिल्ले.कुडतरीचे आमदार अलेक्स रेजिनाल्ड लॉरन्स, कुडतरीचे सरपंच Clive Esteibeiro, नुस्तेमारी खात्याचे सचिव प्रसन्न आचार्य, नुस्तेमारी खात्यांची संचालक dr. शमीला मोंतेरो आनी हेर मानेस्त हजर आशिल्ले.  प्रधानमंत्री मत्स्य संपदा योजनेच्या यशस्वी अंमलबजावणीखातीर आणि मत्स्यव्यवसाय क्षेत्रात सकारात्मक बदल घडोवन हाडपाक केल्या प्रयत्नांबद्दल हळर्णकर हाणी प्रधान मंत्री  नरेंद्र मोदी आणि मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे  कौतुक केले.

DIP – 105

गोंय राज्य जैविविधताय मंडळान पावसात रानांतल्या रोयणींचेर वादपी अळमीं मोठ्या प्रमाणात काडची न्हय अशी विंनती  लोकांक केल्या. अळम्यांच्या जातींचो सांबाळ करपा खातीर लोकांनी रोयणींचेर पन्नास टक्के अळमीं दवरची.   रानांत रोयणींचेर जावपी अळमीं मोठ्या प्रमाणात तोडिल्ल्यान पर्यावरणाचो समतोल बिघडटा. आयज अनेक अळम्यांच्यो जाती नश्ट जाल्ल्यो आसात. तशेंच पुराय वाड न जाल्ली बारीक अळमीं काडिल्ल्यान फुडल्या वर्सांनी अळमीं वाडपाचें प्रमाणय कमी जायत वता.  तशेंच अळम्यांचे बारीक कळे काडपाच्या प्रकाराक लागून रोयणींतल्या वाळटीच्या अळ्यांकय धोको निर्माण जाता आनी पर्यावरणाचो समतोल बिघडटा. पर्यावरणाचो समतोल बिघडिल्ल्यान माकड जोरा सारखो संसर्ग पातळपाचीय शक्यताय आसता.

खाजगी रान मालकांनीय आपल्या रानांतल्या रोयणींचेर वाडपाचें अळम्यांच्या जातीचो  सांबाळ करपा खातीर यत्न करचे अशेंय मंडळान मागला.

गणेश 60

दर्जेदार शिक्षणा संबंदी मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हे पयली ते आठवी मेरेनचे विद्यार्थी आनी शिक्षकां कडे फाल्या  सकाळीं 11 वरांचेर ‘वर्च्युअली ’ संवाद सादतले

अशे शिक्षण संचालकांन परिपत्रक जारी केलां. हे कार्यावळींत मुख्याध्यापक, शिक्षक आनी विद्यार्थ्यांक मुख्यमंत्र्या कडेन संवाद सादपाची संद मेळटली. आणि ते खातीर गरजेची वेवस्था करची अशें शिक्षण संचालक शैलेश झिंगडे हांणी परिपत्रक जारी केलां.

राजेश ५०

साखळे रवींद्र भवनातं आज नामनेचो अभिनेतो तशेच दिग्दर्शक सुबोध भावे हाची गप्पागोष्टी ही कार्यावळ जातली. रवींद्र भवनाच्या मनोहरबुवा शिरगावकर सभागृहात सांजवेळा सात वरांचेर जावपी हे कार्यावळीत सिद्धी उपाध्ये तांचेकडे संवाद सादतले.

DIP ४०

नुस्तेमारी संचालनालय, दयानंद बांदोडकर मार्ग, पणजी हांगा आज दनपारां 2.30 वरा सावन धव्या सुंगटांची विक्री पयली येवप्याक पयली हे तत्वार स्टॉक सोपमेरेन करतले . सुंगटांची विक्री किलाक 350/- रूपया दरान करतले. नुस्तेमारी खात्यान आपल्या एला धावजी हांगाच्या फार्मात सुंगटांची उत्पत्ती केल्या.

Weather –

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत काल कमाल तापमान ३१.७डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान **25.** डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला**.**

स्पोर्ट्स 50

गोवा ऑलिंपिक असोसिएशन (जीओए) ची वरसुकी आमसभा १८ जुलै क जातली. ते वेळार संघटनेच्या वेचनुकीची तारीख निश्चित करतले तसेच निवडणूक अधिकारीही नियुक्त करतले. 'जीओए'च्या अध्यक्षपदार केंद्रीय मंत्री श्रीपाद नाईक, तर सचिव पदार गुरुदत्त भक्ता आसात. राष्ट्रीय खेळा आचार संहिते प्रमाण 'जीओए'ची आगामी वेच्णूक जाल्यार सध्याच्या कार्यकारिणीतले चडशे पदाधिकारी-सदस्य वेचणूक लडोवपाक अपात्र ठरतले.